13/08/2025 आकाशवाणी पणजी 6.30 PM

राष्ट्रीय खबरो

भारत-सिंगापूर तिसरी मंत्रीमंडळ पावंडयवेली गोलमेज परिशद आयज नवी दिल्लींत जाली. केंद्रिय मंत्री डॉ. एस. जयशंकर, निर्मला सीतारामन, अश्विनी वैष्णव पीयूष गोयल आनी सिंगापूरचे उपप्रधानमंत्री आनी विदेश मंत्री हे बसकेत वाटेकर जाल्ले. ह्यावेळार भारत-सिंगापूर व्यापक रणनिती भागीदारी घटमूट जावप हेतान केल्ल्या वचनबद्धतेखातीर विदेश मंत्री डॉ. एस जयशंकर हांणी तांचे उपकार मानले.

परकीय दबाव आसून लेगीत, वेपार करारांत घेतील्ल्या धाडसी निर्णया

खातीर, देशभरांतल्या शेतकारांनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे उपकार मानल्यात.

देशाचे स्वातंत्र्य दीसाक फकत दोन दीस उरील्यान देशांत आनी विदेशांत नेटान तयारी सुरू आसा. हे फाटभुंयेर पाकिस्ताना वांगडा आशिल्ल्या शिम वाठारांनी सुरक्षा वाडयल्या. कायदो आनी सुवेवस्था सांबाळपा खातीर अर्द सैनिक दळ आनी कमांडो सयत हजारांनी सुरक्षा कर्मचाऱ्यांक नेमल्यात. स्वातंत्र्य दिसा निमतान श्रीलंकेच्या कोलंबो शारांत स्वामी विवेकानंद सांस्कृतीक केंद्रान संगीत कार्यावळ घडोवन हाडल्या. ह्या कार्यावळीत नामनेची गायिका कविता कृष्णमूर्ती आनी व्हायोलीनवादक एल. सुब्रमण्यम वाटेकर जातले .

आयच्यान फुडले तीन दीस हर घर तिरंगा अभियाना खाला दर इकल्यान आपल्या घरांत तिरंगो हूबवपाचें आवाहन केलां. केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह हाणी आपल्या राबीत्या घरा तिरंगो हूबयलो. ही मोहीम आतां लोक चळवळीचें रूप घेवन देशांत एकचाराचो संदेश दिता अशें ताणी सोशल मिडियाचेर संदेशांत म्हणलां.

मजगती नागरिकां मदीं देशभक्तीची भावना निर्माण करपा खातीर गोयातल्या राष्ट्रीय तंत्रज्ञान संस्था म्हळयार एनआयटी गोंय हांणी कॉंकोलीम पुलीस स्टेशनाच्या जोडपालवान ‘हर घर तिरंगा’ रॅली घडोवन हाडली.

इतले मजगती 15 ऑगस्टाक नवी दिल्लींत जावपी स्वातंत्र्य दिसाच्या कार्यावळीत दोनशें धा पंचायत फुडारी खाशेले सोयरे म्हणून हाजीर आसतले.

समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्री डॉ. वीरेंद्र कुमार हाणी घुवळे वखदाचो दुरुपेयग देशाच्या सामाजिक रचनेचेर प्रतिकूल परिणाम करता अशे सांगला . आयज नवी दिल्लींत ड्रग मुक्त भारत मोहिमेक पांच वर्स पुराय जाल्या निमतान तांणी सांगलें (बाइट्स sec )

गोयचे मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी आयज नवी दिल्लींत केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री आनी भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष जे पी नड्डा हांची भेट घेतली . गोंय अनुसुचीत जमातीं राजकी आरक्षण विधेयक संसदेंत संमत जाल्ल्या खातीर मुख्यमंत्र्यानी उपकार मानले. तशेच गोंय वैजकी म्हाविद्यालया खातीर 50 अतिरिक्त एमबीबीएस जाग्याचो प्रस्ताव बेगीन पुराय करपाक मुख्यमंत्र्यान तांचो आदार मागलो.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी 31 ऑगस्टक आकाशवाणीच्या 'मन की बात' कार्यावळींतल्यान देशवासियान कडेन आपले विचार मांडतले . ह्या कार्यावळी खातीर लोकांनी आपल्यो कल्पना आनी सुचोवण्यो टोल फ्री नंबर 1800-11-7800 वरवीं तशेंच नरेंद्र मोदी अॅप वा मायगॉव ओपन फोरम वरवीं धाडू येतात .

भारताचे मुखेल न्यायाधीश बी.आर.गवई हाणी दिल्ली-एनसीआरांतल्या रस्तद सुण्यांच्या स्थलांतराच्या प्रस्नाचेर सर्वोच्च न्यायालय पळयतले अशें सांगलें. न्यायाधीश जे.बी.परदीवाला आनी आर.महादेवन हांच्या खंडपिठान सोमारा दिल्ल्या निर्णयाचो उल्लेख मुखेल न्यायाधीशानी केलो जातूंत दिल्ली-एनसीआरांतल्या नगरपालिकाक सगळ्या रस्तद सुण्यांक बेगोबेग धरून स्थलांतरित करपाचे निर्देश दिल्ले.

सर्वोच्च न्यायालयान आयज दोन फावटीं ऑलिंपिक पदक जिखपी सुशील कुमाराचो जामीन रद्द केलो.

भारतीय हवामान खात्यान आयज उत्तराखंड, बिहार, तेलंगणा आनी दर्यादिगेवेल्या आंध्र प्रदेशांत चड पावसाखतिर रेड अलर्ट जारी केला.

भारताचो गुलवीर सिंग बुडापेस्टांत जाल्ल्या ग्युलाई इस्तवान मेमोरियल - हंगेरीयन एथलेटिक्स ग्रॅण्ड प्रिक्सांत दादल्यांच्या 3000 मीटर सर्तींत पांचवे सुवातेर पावलो.